**रेड्डी हांचे हस्तुकीं पोरण्या गोंया हेलीपॅडाचे उक्तावण**

ता. 20 सप्टेंबर 2021

केंद्रीय उत्तर पुर्व भारत पर्यटन, संस्कृती आनी विकास मंत्री श्री. जी. किशन जी. रेड्डी हांणी आयज धावजी, पोरणे गोंय हांगा स्वदेश दर्शन येवजणे खाला उबारिल्ल्या हेलीपॅडाचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांच्या खास उपस्थितीत उक्तावण केला.

ह्या वेळार उलयताना केंद्रीय पर्यटन, संस्कृती आनी विकास मंत्री श्री. जी. किशन जी. रेड्डी हांणी गोंय हे देशातले म्हत्वाचे पर्यटन स्थळ आशिल्ल्याचे गोंयांत संवसारभरातल्यान पर्यटक भेट दितात आनी त्या खातीर गोंयच्या पर्यटन मळाक आवश्यक मदत दिवपाची गरज आसून आयज गोंय आपल्या मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता आसतना केंद्रीय पर्यटन मंत्रालयाकडल्यान गोंयांक आवश्यक मदत दिवपात येता, अशें म्हणलें. पर्यटकांच्यो गरजो पुर्ण करपा खातीर आवश्यक साधनसुविधा निर्माण करपाची गरज आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सुमार पाच कोटी रूपया खर्च करून हे हेलीपॅड उबारिल्ल्याचे सांगलें आनी हेलीपॅड उबारपाक मदत केल्ले खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय पर्यटन, संस्कृती आनी विकास मंत्री श्री. जी. किशन जी. रेड्डी हांचे उपकार मानले. हे हेलीपॅड पर्यटन वाडीखातीर फायदेशीर थारतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पर्यटन विकास म्हामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री. दिपक नार्वेकर हांणी म्हामंडळावतीन राज्यांत हेली पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपात येतले म्हणपाचे सांगलें.

पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दयानंद सोपटे, कुंभारजुवेचें आमदार श्री. पांडुरंग मडकयकार, सरपंच श्रीमती जनीता मडकयकार,जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. धाकु मडकयकार पर्यटन सचीव श्री. जे. अशोक कुमार, पर्यटन संचालक श्री. मिनिनो डिसौजा, पर्यटन विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखील देसाय ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/776

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji